Panaji Regional 19th January 2026 7.25am

Rashmi - 120

फुडल्या अर्थीक वर्सा सावन वर्सुकी आशादी आनी कार्तिकी एकादशी यात्रेक वचपी पंढरपूर वारकारींक सुलभ आदार दिवपाचें धोरण गोंय सरकार तयार करतलें अशी म्हायती हालींच सोंपिल्ल्या विधानसभेचया शिंयाळी अधिवेशनांत दिली.मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट हांणी मांडिल्ल्या तारांकीत प्रस्नाक दिल्ल्या जापेत कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकार हांणी पंढररपूर वारींत वांटो घेवपी भक्तां खातीर कला आनी संस्कृती खात्यान राज्यांतल्या वेगवेगळ्या वारकारी गटांच्या प्रतिनिधीं कडेन प्राथमीक चर्चा केल्या, अशे सांगला. ह्या भासाभासांचेर आदारून फुडल्या अर्थीक वर्सा सांवन ती येवजण सुरू करपाचो प्रस्ताव सरकार मांडटा अशी लेखी जाप तवडकार हांणी दील्या.गोंयांतले वारकारी दर वर्सा स्वताच्या खर्चान पांयी पंढरपूराक वतात. तांका रावप, जेवण, वैजकी पुरवण, सामान आनी आयदनां व्हरपा खातीर खर्च येता.प्रस्तावीत येवजणेंत वारकारी गटांची नोंदणी आनी मान्यताय आनी मुळावी सुविधा दिवपी मजत दिवपाचेर भर दितले अशें मंत्र्यांनी सांगलें.

Sushant 110

गोय सरकारच्या माहिती खात्यान घडोवन हाडील्ल्या तिसऱ्या बुलबुल आंतरराष्ट्रीय बाल चित्रपट महोत्सवात कॅनडियन भाशेंतल्या नेव्हॉन ड्रीमिंग ह्या चित्रपटाक भांगरा करंड फावो जालो.लघुपट विभागांत डॅनीश भाशेंतल्या द थिफ ह्या लघुपटाक सगळ्यांत बरो पुरस्कार फावो जालो. दुपकी ह्या भारतीय चित्रपटाची खासा पुरस्कारा खातीर निवड जाली. जाल्यार बर्ड्स ऑफ अ डिफरेंट फेदर ह्या सिनेमांत भूमिका करपी जयश्री हिका उत्कृश्ट बाल कलाकार म्हणून पुरस्कार फावो जालो.या महोत्सवाचो समारोप सुवाळो शेनवारा राती उसरा मडगावा रवींद्र भवनात मुखेल मंत्री डॉ.  प्रमोद सावंत हांचे उपस्थितीत जालो. भुरगीं आनी तरणाट्यांचो फुडार घडोवपाच्या हेतान बुलबुल बाल चित्रपट महोत्सव घडोवन हाडटात. ह्या महोत्सवाक लागून भुरग्यांच्या सृजनशीलतेक आनी प्रतिभेक व्याप्ती मेळटली अशें मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी स्पश्ट केलें.

Desk 80

बोरी डेव्हल्पमेंट ट्रस्ट वतींन  'बोरी उत्सव २०२६' आयतारा ८ फेब्रुवारी सकाळी श्री नवदुर्गा देवळाच्या  मंडपात जातलो .ह्या वेळार  'लक्ष्मीदास बोरकर स्मृती पत्रकार २०२६

पुरस्कार 'धर्मानंद कामत हांका भेटयतले, 'डॉ. रमेश बोरकर स्मृती धन्वंतरी पुरस्कार २०२६' डॉ. प्रकाश कुराडे हांका, जाल्यार 'कविवर्य बा.भ. बोरकर स्मृती २०२६ पुरस्कार' अरुण साखरदांडे हांका भेटयतले, 'रुक्मिणीबाई बाळकृष्ण बोरकर स्मृती समाजसेवा पुरस्कार २०२६लोकविश्वस प्रतिष्ठानचे अनुप प्रियोळकर हांका जाल्यार 'पं. तुळशीदास बोरकर स्मृती पुरस्कार' पं. शरद मठकर हांका भेटयतले.

Rashmi – 30

भारतीय वैजकी संघटनेच्या तिसवाडी शाखेच्या 2026 वर्साच्या नव्या कार्यकारी समितीचो स्थापना सुवाळो आयतारा जालो. पणजेच्या हॉटेल डेलमनात जाल्ल्या कार्यावळींत अध्यक्ष म्हणून डॉ निलेश तळवडकर, सचीव म्हणून डॉ विराज कांदोलकर आनी कोषाध्यक्ष म्हणून डॉ सस्मीत लोटलीकार हांची नेमणूक जाली.

Ganesh – 110

वन - म्हावळींग्यां संवसारीक पांवड्या वेले क्रिकेट स्टेडियम उबारपा विशी कसलोच प्रस्ताव खेळा खात्या कडेन पावूंक ना. स्टेडियमा खातीर धारगळचोच जागो जीसीएक लिजाचेर दिल्या, अशें खेळा मंत्री रमेश तवडकार हांणी स्पश्ट केलें. आमदार प्रेमेंद शेट हांच्या लेखी प्रस्नाक तांणी ही लेखी जाप दिल्या. वन - म्हावळींग्यां गोंय क्रिकेट संघटणेची जमीन आसा. हांगा संवसारीक पांवड्या वेलें क्रिकेट स्टेडियम उबारपाचो प्रस्ताव आसा काय? स्टेडियम उबारपा विशींची

स्थिती किर्दें आसा? असो लेखी प्रस्न आमदार प्रेमेंद शेट हांणी विचारिल्लो. हाचेर खेळा मंत्र्यांनी ही जाप दिल्या.

धारगळे सरकारान 919789 चौमि जमीन संपादीत केल्या. हाचे पैकी 1 लाख 89 हजार 930 चौमी जमीन जीसीए क्रिकेट स्टेडियमा खातीर लीजाचेर दिल्या. लीजाचो कालावधी 33 वर्सांचो आसा अशें जापेत म्हणला.

Weather – 20

गोय वेधशाळेनं उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 32-33 डिग्रीस celcius जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 22-23 डिग्रीस celcius आसपाची शक्यताय आसा.

लोकोत्सव-२०२६-80

कला आनी संस्कृती संचालनालय 20 जानेवारी ते 29 जानेवारी 2026 मेरेन लोकोत्सव घडोवन हाडतले.ह्या वर्सुकी लोकोत्सव-2026त देशभरांतल्या लोककला आनी हस्तकलेचो सोबीत मिश्रण सादर करतले अशी म्हायती कला संस्कृती मंत्री रमेश तवडकार हाणी दिली. कला अकादमीच्या दर्या संगम हांगा हो महोत्सव आयोजीत करतले. ह्या वेळार सुमार ५०० लोक कलाकार आपल्या राज्यांतले वेगवेगळे लोकनाच आनी संगीत सादर करतले. ह्या महोत्सवांत सुमार 700 कारागिर आपले हस्तकलेचें प्रदर्शन करतले. उक्तावण फाल्या सांजवेळा 6 वरांचेर जातलें. मुखेल सोयरे म्हूण मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हाजीर आसतले.